Panaji

National News

29th October 2026 0840

1. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या येजमानके खाला काल नवी दिल्लींत आयसीटी सक्षम, बहु-मॉडल प्लॅटफॉर्म प्रगतीची बसका जाली.
2. कंटेनर आनी खेळा साहित्य उत्पादनाच्या क्षेत्रांत भारताक जागतिक केंद्र म्हणून विकसित करपाखातीर सरकारान येवजणांक मंजुरी दिली.
3. भारताचो 22 लाख कोटी रुपया मोलाचो मोटार उद्देग जपानाक फाटी उडोवन संवसारांतलो तिसरो व्हड उद्देग जाला अशे रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी सांगलां.
4. बायलांच्या क्रिकेटांत काल जाल्ल्या तिसऱ्या आनी निमाण्या एकदिसा आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारतान झिंबाब्वेक 8 विकेटींनी हारयले आनी माळ 3-शून्य अशी जिखली.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल नवी दिल्लींतल्या सेवा तीर्थ हांगा आयसीटी सक्षम, बहु-मॉडल प्लॅटफॉर्म प्रगतीची 54 वी बसकेची येजमानकी चलयली.ह्या बसकेंत प्रधानमंत्री मोदी हांणी रेल्वे, एकता मॉल्स आनी ड्रग पार्कांशी संबंदीत पायाभूत सुविधा प्रकल्पांचो नियाळ घेतलो. ३१ राज्यां आनी केंद्रशासित प्रदेशांनी पसरिल्ल्या ह्या प्रकल्पांचो एकूण खर्च १६ हजार कोटी रुपयांपरस चड आसा. आर्थिक विकास आनी लोककल्याणाच्या दृष्टीन म्हत्वाच्या आशिल्ल्या ह्या प्रकल्पांचो आढावो घेतना, प्रधानमंत्र्यांनी निर्धारित वेळापत्रक, विविध सरकारी यंत्रणांमदलो समन्वय आनी समस्यांचें वेळार निराकरण हांचेर भर दिलो. प्रधानमंत्री एकता मॉल्स हे स्थानिक उत्पादनांखातीर बाजारपेठ उपलब्ध करून दिवपी, कारागिरांच्या उपजीविकेक बळकटी दिवपी आनी तांकां आपले व्यवसाय विस्तारपाक मदत करपी केंद्रां जावंक जाय, अशें तांणी अधोरेखित केलें. मुखेल सचीवांनी ह्या मॉलांच्या प्रगतीचो नियमित नियाळ घेवचो आनी तांचें काम वेळार पुराय जातलें हाची खात्री करची, अशे निर्देश प्रधानमंत्र्यांनी दिले.

केंद्रीय मंत्रिमंडळान देशांतर्गत उत्पादनाक प्रोत्साहन दिवपाखातीर कंटेनर उत्पादन प्रोत्साहन येवजणेक मान्यताय दिल्या. हे येवजणे खातीर आर्थीक वर्स 2039-40 मेरेन 13 वर्सां खातीर धा हजार कोटी रुपयांची तरतूद आसा. भारतांत संवसारीक पांवड्यार स्पर्धात्मक कंटेनर उत्पादन परिसंस्था स्थापन करप, आयातिचेर अवलंबन उणें करप आनी पुरवण साखळीची लवचीकता घटमूट करप हो हे येवजणेचो हेत आसा. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या अध्यक्षतेखाला जाल्ले केंद्रीय मंत्रीमंडळ बसके उपरांत मिडियाक म्हायती दितना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें
उच्च दर्जाच्या खेळां साहित्याच्या उत्पादनाखातीर भारताक जागतिक केंद्र म्हणून विकसित करपाच्या उद्देशान केंद्रीय मंत्रिमंडळान ‘खेलो इंडिया खेळां साहित्य उत्पादन येवजणेक’ मान्यताय दिल्या.

केंद्रीय मंत्रिमंडळान प्रधानमंत्री विकसित ग्राम स्वराज येवजणेक केंद्र पुरस्कृत येवजण म्हणून मंजुरी दिल्या. ह्या येवजणे खातीर एकूण ७ हजार ३९५ कोटी रुपयांची आर्थिक तरतूद केल्या. ही येवजण २०२६-२७ ते २०३०-३१ ह्या पांच वर्सांच्या कालावधींत राबयतले. ग्रामपंचायतींक सक्षम करप आनी तळागाळांतल्या प्रशासन व्यवस्थेक घटमूठ करप हो ह्या येवजणेचो मुख्य उद्देश आसा.
केंद्रीय मंत्रिमंडळान केंद्र सरकारच्या कर्मचाऱ्यांच्या म्हारगायीं भत्त्यांत आनी पेन्शनरांच्या महागाई दिलास्यात तीन टक्क्यांनी वाड करपाकय मंजुरी दिल्या.

केंद्रीय गृह मंत्री अमित शाह हांणी काल राष्ट्रपती भवनांत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांची भेट घेतली. शाह हांणी सोशल मीडियावयल्या पोस्टाच्या माध्यमांतल्यान ह्या भेटीची माहिती दिली.

अस्तंत आशियांत चालू आशिल्ल्या संघर्शांत आतां मेरेन 14 खलाश्यांसयत एकूण बावीस भारतीयांक मरण आयलां अशें परराश्ट्र मंत्रालयान सांगलां. काल नवी दिल्लींत मिडियाक म्हायती दितना मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जयसवाल हांणी चालू आशिल्ल्या संघर्शा विशीं खोलायेन हुस्को उक्तायलो.
पॅरिसांत सुरू आशिल्ल्या आर्थिक कारवाई कृती दलाच्या (FATF) बसकेविशीं उलयतना, प्रवक्ते रणधीर जयस्वाल हांणी दहशतवादाक जावपी वित्तपुरन आनी सीमापार दहशतवाद हांच्या विरोधांत भारताची ठाम भूमिका परत एक फावट स्पष्ट केली.

परराष्ट्र व्यवहार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांणी काल नवी दिल्लींत ऑस्ट्रियाच्या परराष्ट्र मंत्रि बेआते माइनल-राइजिंगर हांचेबरोबर चर्चा केली. दोन्ही मंत्र्यांमदीं भारत-ऑस्ट्रिया भागीदारी अधिक मजबूत करपाच्या वेगवेगळया पैलूंवयल्यान सविस्तर चर्चा जाली. ह्या चर्चेंत व्यापार, गुंतवणूक, पायाभूत सुविधा, तंत्रज्ञान, शिक्षण आनी संस्कृती ह्या विशयांचो आस्पाव आशिल्लो.बसके वेळार उक्तावण उलोवपांत डॉ जयशंकर हांणी युरोपियन युनियन कडेन भारताचे संबंद आनीक दृढ जाल्यात आनी फुडल्या म्हयन्यांत मुक्त वेपार कबलात चालीक लावपाची भारत वाट पळयता अशें सांगलें.

केंद्र सरकारान प्रधानमंत्री रोजगार निर्मिती कार्यक्रमांतर्गत (PMEGP) एक हजार कोटी रुपयांचें मार्जिन मनी अनुदान वितरित केलां. नवी दिल्लींत सूक्ष्म, लघु आनी मध्यम उद्योग मंत्रालयान आयोजीत केल्ल्या खास कार्यक्रमांत केंद्रीय सूक्ष्म, लघु आनी मध्यम उद्योग मंत्री जीतन राम मांझी हांच्या हस्तुकीं हें अनुदान वितरित केलें. ह्या अनुदानाक लागून ह्या कार्यक्रमांतर्गत ११ हजारांपरस चड लाभार्थ्यांक सहाय्य मेळटलें.

भारताचो 22 लाख कोटी रुपया मोलाचो मोटार उद्देग जपानाक फाटी उडोवन संवसारांतलो तिसरो व्हड उद्देग जाला अशे रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी सांगलां. ते नवी दिल्लींत परिशदेंत उलयताले. देशभरांत उच्च दर्जाच्या रस्त्यांच्या बांधकामाक लागून भारताच्या लॉजिस्टिक खर्चांत 6 टक्क्यांनी उणाव जाला अशें गडकरी हांणी नमूद केले. हायड्रोजन आनी हेर मोलादीक उर्जा उत्पादनाच्या उत्पादनांत भारतीय शेतकारांची म्हत्वाची भुमिका आसा असो उल्लेख गडकरी हांणी केलो. Byte

अर्नब चक्रीवादळाक लागून आंध्र प्रदेशांतल्या जायत्या जिल्ह्यांनी पिकांचे, घरां, रस्ते आनी वीज मुळाव्या साधनसुविधांचे व्हड प्रमाणांत लुकसाण जालां. लुकसानीचो नियाळ घेवपाखातीर एक आंतर-मंत्रालयीन पथक धाडचे अशी विनंती मुख्यमंत्री एन. चंद्रबाबू नायडू हाणी केंद्राकडे केल्या.

बायलांच्या क्रिकेटांत काल सांजवेळा वडोदरा हांगा जाल्ल्या तिसऱ्या आनी निमाण्या एकदिसा आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारतान झिंबाब्वेक 8 विकेटींनी हारयले आनी माळ 3-शून्य अशी जिखली. आपल्या मॅच जिंकपी गोलंदाजी खातीर वैष्णवी शर्माक player of the match म्हणून जाहिर केले.प्रतिका रावल ही player of the series पुरस्काराची मानकरी थारली.

हॉकींत आयज पंजाबांतल्या जालंधरांत सुरु आशिल्ल्या दादल्यांच्या आशियाई चॅम्पियन्स ट्रॉफी 2026 च्या दुसऱ्या राउंड रोबिन मॅचींत भारत चीना आड खेळटलो. ही मॅच भारतीय वेळा प्रमाण सांजवेळा 7 वरांचेर सुरू जावपाची आसा.

भारतिय हवामान खात्यान आयज ओडिशाच्या कांय भितरल्या वाठारांनी घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. नुस्तेमारांक आज बंगालच्या वायव्य खाडींत आनी अस्तंत बंगालाच्या दर्यादेगेवेल्या वाठारांनी वच्चे न्हय असो सल्लो दिला.